TRANSLATED VERSION

(इंग्लीशींत टंकलिखीत केल्ल्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी अणकार)

2023 INSC 660

<u>प्रकाशन योग्य</u>

भारताच्या सर्वोच्च न्यायालयांत
फौजदारी अपिलीय अधिकारक्षेत्र

<u>फौजदारी अपील क्र. 2023 चो 2207</u>

<u>[2023 चीक्र. 3433 हे खास अनुमती याचिकेंतल्यान (सीआरएल.) उद्भवपी]</u>

एमडी. अस्फाक आलम ... अपीलकर्ता

विरुद्ध

झारखंड राज्य आनी आनीक एक ... प्रतिवादी

<u>न्यायनिवाडो</u>

<u>एस. रवींद्र भट, न्या.</u>

1. सुनावणेचे आदले तारखेर म्हणल्यार 26.07.2023 दिसा, ह्या न्यायालयान खास अनुमती याचिकेच्या पक्षकारांच्या वकिलाचें आयकून घेतलें. पूण आक्षेपीत आदेशाचें विशेश स्वरूप आशिल्ल्यान, ह्या प्रकरणाचो फाटीं दवरिल्लो आदेश आयज घोशीत करतात.

2. खास अनुमती मंजूर करतात. अपीलकर्त्याक अटकपूर्व जामीन दिवंक नाशिल्ल्यान आनी मुखार ताका न्यायालयांत आत्मसमर्पण करून सामान्य जामीन मागपाचो निर्देश दिल्ल्यान तो व्यथीत आसा.

3. आवश्यक वस्तुस्थिती म्हणल्यार अपीलकर्ता आनी दुसरी प्रतिवादी (हाचे फुडें "घरकार आनी घरकान्न" अशें अनुक्रमान म्हणटले) हांचें 5.11.2020 दिसा लग्न जाल्लें. प्रतिवादी-घरकान्न खोशी नाशिल्ली आनी तिचो बापूय हस्तक्षेप करतालो आनी ताचेर आनी ताच्या घरच्यांचेर दबाव हाडटालो असो आरोप अपीलकर्त्यान केला. हाचो परिणाम म्हणून अपीलकर्त्याच्या कुटुंबाक धमकायता म्हणून घरकान्नीच्या कुटुंबा आड कागाळ नोंद जाली. 02.04.2022 दिसा, *ललिता कुमारी विरुद्ध उत्तर प्रदेश सरकार आनी हेर*[1] ह्या पांच न्यायधिशांच्या खंडपिठान दिल्ले निर्देश पाळिनासतना, संबंदीत पुलीस स्थानकान[2], भारतीय दंड संहिता, 1860 (आय.पी.सी.) हाच्या कलम 498A, 323/504/506 आनी हुंडो प्रतिबंधात्मक अधिनेम हाच्या कलम 3 आनी 4 खाला गुन्यांवांचे करणेचे कागाळी वयल्यान, अपीलकर्ता आनी ताचो भाव आनी हेरां आड प्रथम माहिती अहवाल (एफ.आय.आर.) नोंद केलो, असो आरोप आसा.

4. अपीलकर्त्याक अटक जावपाची धास्ती आसली आनी म्हणून फौजदारी प्रक्रिया संहिता, 1973 (सीआर.पी.सी.) हाच्या कलम 438 खाला झारखंड, गुलमच्या सत्र न्यायाधिशा कडेन अटकपूर्व जामिना खातीर अर्ज केलो; आनी तो अर्ज 28.06.2022 दिसा भायर मारलो. अपीलकर्त्यान उपरांत झारखंड उच्च न्यायालयांत 05.07.2022 दिसा अटकपूर्व जामिना खातीर अर्ज केलो. ह्या पुराय काळांत, अपीलकर्त्यान तपासणेंत सहकार्य दिलें, आनी तपास जातकच, सत्र न्यायाधिशा कडेन आरोपपत्र दाखल जालें.

5. सत्र न्यायालयान 01.10.2022 दिसा दखल घेतली. उच्च न्यायालयान अपीलकर्त्याक अटक करची न्हय, अशे निर्देश 08.08.2022 दिसा दिवन अंतरीम आदेश दिवन ताका संरक्षण दिलें अशें सत्र न्यायालयान ह्या आदेशांत नमूद केलें. फुडें, जेन्ना 18.01.2023 दिसा उच्च न्यायालयांत अर्जाचेर सुनावणी जाली तेन्ना, चड भर दिनासतना, प्रलंबीत अटकपूर्व जामीन न्हयकारलो आनी उच्च न्यायालयान अपीलकर्त्याक योग्य न्यायालया मुखार आत्मसमर्पण करून सामान्य जामीन मागपाचो निर्देश दिलो.

उच्च न्यायालयाच्या आक्षेपीत आदेशाचे[3] संबंदीत उतारे सकयल दिल्ल्या प्रमाणें आसात:

---

1 [2013] 14 एससीआर 713.

2 गुमला महिला पी.एस., केस क्र. 07/2022.

3 2022 चे ए.बी.ए. क्र. 5771 तारीख 18.01.2023

*"हे केशींतली वस्तुस्थिती आनी परिस्थिती आनी विद्वान वकिलाचे प्रतिदावे विचारांत घेवन म्हाका दिसून आयलें की, ही केस स्थापीत जातकच माहिती दिवप्याच्या घरच्यां आड फौजदारी केस नोंद करून माहिती दिवप्या आड क्रुरताय जाता असो गंभीर आरोप याचिकादारा आड आसा.*

*विद्वान वकिलांचें प्रतिनिवेदन आनी याचिकादारा आडचे उपलब्ध आशिल्ले मुद्दे, तेच प्रमाणें आरोपांचें गांभीर्य मतींत घेवन, याचिकादाराक अटकपूर्व जामिनाचो लाभ दिवपा वटेन हांव ना, म्हणून तो न्हयकारता.*

*याचिकादाराक सकयल उल्लेख केल्ल्या न्यायालयांत आत्मसमर्पण करपाचो आनी सामान्य जामीन मेळोवपा खातीर प्रार्थना करपाचो निर्देश दिता, सकयल उल्लेख केल्लें विद्वान न्यायालय ह्या आदेशाचो पूर्वग्रह दवरिनासतना, केशीच्या गुणवत्तांचेर ताचो विचार करतलें."*

6. संविधानान वैयक्तीक स्वातंत्र्याच्या मुल्यांचेर म्हत्व दवरलां, आरोपीचो कोठडेंत तपास वा चवकशी करप गरजेची आसल्यार वा आरोपी साक्षिदारांचेर प्रभाव घालपाची शक्यताय न्हयकारूंक जायना अशा गंभीर गुन्यांवांच्या कांय केशींनी, आरोपपत्र दाखल जावचे पयलीं अटक करपाची आवश्यकताय उप्रासूंक शकता अशें अपीलकर्त्याचें म्हणणें आसा. अटक करूंक मेळटा म्हणल्यार दरेके केशींत ती करपाची सक्ती ना अशें विद्वान वकिलाचें म्हणणें आसा आनी अधिकार आसप (अटक करूंक) आनी तो अधिकार वापरपाचें स्पश्टीकरण हांचे मदलो भेद सदांच मतींत दवरूंक जाय हाचेर तांणी भर दिलो. ते खातीर, सीआर.पी.सीचें कलम 41ए हातूंतल्या प्रक्रियात्मक गरजांचें ह्या संबंदान सदांच पालन जावंक जाय असो युक्तिवाद करता.

7. *अर्नेश कुमार विरुद्ध बिहार राज्य आनी आनीक एक*[4], *सतेंदर कुमार अंतिल विरुद्ध केंद्रीय अन्वेशण ब्युरो आनी आनीक एक*[5] आनी *सिद्धार्थ विरुद्ध उत्तर प्रदेश राज्य आनी आनीक एक*[6] हातूंत ह्या न्यायालयाच्या निर्णयांचेर विद्वान वकील निवेदनां अधोरेखीत करूंक निर्भर रावलो आनी आरोपी फरार जावंक शकता वा समन्साचो अवमान करूंक शकता अशें जर तपास अधिकाऱ्याक दिसता जाल्यारूच ताका वा तिका ताब्यांत घेवंक जाय हें तांणी ठळकपणान अधोरेखीत केलें.

8. राज्या वतीन विद्वान वकिलान सादर केलें की, फकत आरोपपत्र दाखल केलां म्हणून आरोपीक अटकपूर्व जामीन मेळपाचो खासा खुद्द हक्क मेळचो ना, जो सदांच विवेकाधीन आसता. आरोपी [ताचे आदले वागणुकेचेर आदारून] साक्षिदारांचेर प्रभाव घालूंक शकता वा पुराव्यां कडेन छेडछाड करपाची शक्यताय आसा, हाचेर न्यायालय सदांच भर दिता. लग्नाक फकत देड म्हयनो जातकच, लग्न जाल्ल्या घरांत अपीलकर्ता आनी ताचे सोयरे नियमीतपणान सतावणूक करता आनी जिवीत हानी करपाची धमकी लेगीत दिल्ली असो आरोप प्रतिवाद्यान

---

4 [2014] 8 एससीआर 128.

5 [2022] 10 एससीआर 351.

6 (2022) 1 एससीसी 676.

केला, जी हे केशींत कागाळ करपी आसा, हें ठळकपणान अधोरेखीत केल्लें. तिका अशे तरेन इंजेसांव दितलें आसलें की तिका काळजाच्या आताकान मरण आयलां असो वैजकी पुरावो मेळपाचो अशा स्वरुपाची धमकी मेळटाली अशें कागाळ करप्याचें म्हणणें आसा, हें ठळकपणान अधोरेखीत केल्लें.

*<u>विश्लेशण</u>*

9. जामीन दिवंक विवेकाधिकार लागू करपा संदर्भांत ह्या न्यायालयान वैयक्तीक स्वातंत्र्याच्या मुल्यांचेर भर दिला. सादारणपणान जामीन दिवपाक जाय आनी गंभीर केशींनी– जे सीआर.पी.सी. च्या तरतुदींनी (कलम 437) निर्दिश्टीत केल्यात, जातूंत मोटी ख्यास्त आशिल्ल्या गुन्यांवांचे आरोप वा हेर विशेश गुन्यांव आसपावीत आसात, अश्या केशींनी न्यायालयान विवेकाधिकार वापरतना सतर्कताय आनी खबरदारी बाळगूंक जाय, असो अधिनिदेश, खूब केशी उरिल्ल्यान दिला. जामीन वा अटकपूर्व जामिना खातीर दावो करपी केशींनी गुन्यांवांचें स्वरूप आनी गांभीर्य, तपासा वेळार पुराव्याचेर परिणाम करप वा धमकी दिवन न्याय-चवकशी (ट्रायल) प्रक्रियेंत हस्तक्षेप करप वा साक्षिदारांक प्रभावीत करपाचो यत्न करपाची आरोपीची प्रवृत्ती वा क्षमता; न्याया पसून आरोपी पळून वचपाची शक्यताय आनी हेर मुद्द्यांक मुखेलपणान विचारांत घेतात. न्याय-चवकशे वेळार, न्याय प्रक्रियेचेर न्यायालयाचें नियंत्रण आसता, आनी न्याय-चवकशेंत आरोपी हाजिरी लायता आनी वांटो घेता हाची खात्री करूंक, आवश्यक दिसता ते प्रमाणें खंयच्योय अटी लागू करूंक तें मेकळें आसा. दरेके केशींत, न्यायायलान ह्या म्हत्वाच्या तत्वांच्या मार्गदर्शनान वावरूंक जाय.

10. *सुशिला अगरवाल विरुद्ध राज्य (दिल्लीचें एनसीटी)*[7] केशींत पांच न्यायाधिशांच्या खंडपिठीय निर्णयांत, आदल्या निर्णयांचो पुनर्नियाळ घेवपाची संद ह्या न्यायालयाक मेळ्ळी, तातूंत *गुरबक्ष सिंग सिब्बिया विरुद्ध पंजाब राज्य*[8] केशीच्या न्यायनिवाड्याक मतींत घेवपाचो आनी अटक जावचे पयलीं जामिनाच्या आदेशाचेर अटी घालून मर्यादेंत दवरप योग्य आसा काय ना हाचेर निर्णय घेवप, खास करून जेन्ना आरोपपत्र दाखल जालां, अश्या गजालींचो तातूंत आसपाव आसा. न्यायालयान, हेर गजाली सयत, आपल्या न्यायनिवाड्यांत (एम. आर. शाह, न्या.) थारायलें की:

> *“7.6 ते खातीर, गुरबक्ष सिंग सिब्बिया [गुरबक्ष सिंग सिब्बिया विरुद्ध पंजाब राज्य, (1980) 2 एससीसी 565 : 1980 एससीसी (फौ.) 465] केशींत ह्या न्यायालयाच्या संविधानीक खंडपिठान केल्लीं निरिक्षणां मतींत घेवन, न्यायालय, तशें करपाचीं कारणां आसल्यार, आदेशांत व्यापिल्ल्या मुद्द्यां संदर्भांत एफ.आय.आर. दाखल जातकच, थोड्या काळा खातीर आदेशाच्या परिचालनाचेर मर्यादा घालूंक शकता आनी अशा प्रकरणांत एफ.आय.आर. दाखल जातकच*

7 2020 (2) एससीआर 1

8 1980] 3 एससीआर 383

*उचीत अशा थोड्या काळा भितर संहितेच्या 437 वा 439 कलमां खाला जामिनाचो आदेश घेवंक अर्जदाराक निर्देश दिवं येता. फुडें, हो स्थीररुपी नेम म्हणून पाळपाची गरज ना अशें निरिक्षण संविधानीक खंडपिठान केलां. वेळ काळा संदर्भांत आदेशाच्या परिचालनाचेर मर्यादा घालप ना हो सामान्य नेम आसूंक जाय अशें निरिक्षण करून तांणी थारायलें. अटक जावचे पयलीं जामिनाचो आदेश मंजूर करतना संबंदीत न्यायालय अटीं घालूंक शकता आनी परिस्थितीची गरज समजून, वेळ काळा संदर्भांत आदेशाच्या परिचालनाचेर मर्यादा घालप हाचो आसपाव आसा, खास करून ज्या पांवड्यार "अटकपूर्व जामीन" अर्ज करता तेन्ना, म्हणल्यार एफ.आय.आर. दाखल जावचे पयलीं वा एफ.आय.आर. दाखल जातकच आनी तपास चालू आसा वा तपास पुराय जाला आनी आरोपपत्र दाखल जालां अशा पांवड्यार तो केला, अशें आमचें मत आसा. पूण, वयर निरिक्षण केल्ल्या प्रमाणें, वेळ काळा संदर्भांत आदेशाचेर मर्यादा घालप ना हो सामान्य नेम आसूंक जाय."*

मांडिल्लो सहमतीचो विचार (ह्या न्यायनिवाड्याच्या बरोवप्यान) असो आसा:

*"85.3. वेळाच्या संबंदान, वा एफ.आय.आर दाखल जातकच, वा पुलिसांनी तपास वा चवकशे वेळार साक्षिदाराचें विधान नोंद करूंक आनी हेरां संदर्भांत, थाकायाचेर मर्यादा घालपी अटी घालूंक, सीआर.पी.सी. चें 438 कलम न्यायालयांचेर सक्ती घालिना वा वचनबद्द करिना. अर्ज (अटकपूर्व जामीन मंजूर करपी) जोखतना आनी विचारांत घेतना, न्यायालयान, गुन्यांवाचें स्वरूप, व्यक्तीची भुमिका, ती व्यक्ती तपासाचेर प्रभाव घालपाची शक्यताय, वा पुराव्या कडेन छेडछाड करूंक शकता (साक्षिदारांक भंय घालप हाचे सयत), न्याय प्रक्रिये वेळार फरार जावपाची शक्यताय (देखीक, देश सोडप) आनी हेर गजाली विचारांत घेवंक जाय. न्यायालयांचो निर्णय उचीत थारतलो – आनी सीआर.पी.सी. च्या 437(3) कलमांत [कलम 438(2) हाका अनुसरून] दिल्ल्यो अटीं लागू करूंक शकतलीं. हेर निर्बंध घालपी अटीं लागू करपाचे आवश्यकताये विशीं प्रकरणां प्रमाणें, आनी राज्यान वा तपास यंत्रणेन प्रस्तूत केल्ल्या मुद्द्यांचेर आदारून जोखचें पडटलें. जर केशीची वा केशींची तशी गरज आसा जाल्यार अश्यो विशेश वा हेर निर्बंध घालपी अटीं लागू करूं येता, पूण सगळया केशींनी नियमीतपणान त्यो लागू करच्यो न्हय. तेच प्रमाणें, खंयच्याय केशीच्या वा केशींच्या वस्तुस्थितींची तशी गरज आसा जाल्यार मंजूर केल्ल्या अटकपूर्व जामिनाचेर मर्यादा घालपी अटीं घालूं येतात; पूण अश्यो मर्यादा घालपी अटीं स्थीररुपान घालूंक जायना.*

*********************************

*85.4. अटकपूर्व जामीन मंजूर करप काय न्हयकारप हाचें निर्धारण करतना, गुन्यांवांचें स्वरूप आनी गांभीर्य, अर्जदाराची भुमिका, आनी केशीची वस्तुस्थिती, ह्या सारकिल्या विचारांनी, न्यायालयां, सामान्यपणान मार्गदर्शना खाला आसतात. मंजूर करप काय ना तो विवेकाधिकार; तेच तरेन, आनी गरज आसल्यार, कसल्यो विशेश अटीं लागू करप (वा लागू करप ना) हें केशीच्या विस्तुस्थितींचेर आदारून, आनी न्यायालयाच्या विवेकाधिकाराचे अधीन आसा.*

*85.5. आरोपीचे वर्तणुकेच्या आनी वागणुकेच्या आदाराचेर मंजूर केल्लो अटकपूर्व जामीन, आरोपपत्र दाखल जाल्या उपरांत न्याय-चवकशी (ट्रायल) सोंप मेरेन उरूंक शकता. तशेंच, अटकपूर्व जामिनाचो आदेश "व्यापक रुपी" (सगळ्या केशींक लागू जावपी) आसूंक जायना, जाका लागून आरोपीक मुखार आनीक गुन्यांव करून थाकायेचो दावो करूंक मेळूंक जायना. एकाद्रे घडणुके संबंदान अटक जावपाचो हुस्को आशिल्ल्यान, त्या गुन्यांव वा घडणुकेक सिमीत आशिल्लो तो आदेश आसूंक जाय. गुन्यांवाची करणी आसपावीत आशिल्ले फुडाराचे घडणुके संबंदान तो परिचालीत आसूंक शकना.*

*************************************

*87. आमच्या प्रजासत्ताक देशाच्या इतिहासान – आनी तशेंच, स्वतंत्रताय चळवळीन दाखयलां की, मनमानीन अटक जावपाची शक्यताय आनी अनिश्चीत स्थानबद्दताय आनी सुरक्षीततायेची कमी, ह्या म्हत्वाच्या कारणांक लागून, स्वतंत्रतायेची मागणी करीत लोकांक रस्त्यार येवपाक लायलें. रोवलेट एक्टाक लागून, ताचे आडचीं देशभरचीं निदर्शनां, जालियानवाला बाग हत्याकांड आनी हेर कितल्योश्योच घडणुको, जंय निदर्शनां करपाचो हक्क सामान्य लोक वापरताले, पूण निश्ठूरपणान तांचेर चेपण हाडलें आनी खूब तेंपा खातीर तांकां बंदखण जाली. मनमानीची आनी जुलमी (अविवेदबुद्दीची) अटक करपाचें संकट : चड करून नागरिकांक त्रास दिवंक आनी तांचो मानभंग करूंक तशेंच चडशे फावटीं, शक्तीशाली लोकांच्या हितान (आनी गुन्यांवांचो अर्थपूर्ण तपास जावचो न्हय म्हणून) केल्ल्या कृत्यांक लागून 438 कलम तयार केलें. साबार कायदो आयोगाचे अहवाल आनी साबार समित्यांच्यो आनी आयोगांच्यो शिफारशी आसून लेगीत मनमानीची आनी कारण नासतनाची अटक व्यापकधर्मी परिघटना म्हणून चालूच आसात. कालावधी संदर्भांत वा आरोपपत्र दाखल जायत मेरेन, वा गंभीर गुन्यांवांनी, अटक जावचे पयलीं जामीन वा अटकपूर्व जामीन मंजूर करपाच्या न्यायालयांच्या अधिकाराचेर वा विवेकाधिकाराचेर आळो हाडप हें संसदेक योग्य दिसूंक ना. ते खातीर, जर न्यायालय, न्यायीक अर्थावणी वरवीं, त्या अधिकार वापरपाचेर मर्यादा घालता, जाल्यार तें जनहिताचें जावचें ना : अशें केल्ल्यान हो विवेकाधिकार थोडो थोडो करून अर्थहीण जातलो आनी ताका लागून, फाटल्या 46 वर्सां सावन काळाचे कसोटेर तग धरून राविल्ले हे तरतुदीच्या उद्देशा आड वतलो."*

11. वकिलान उल्लेख केल्ले निर्णय, भारतीय दंड संहितेच्या 489ए सारकिल्या लग्ना संबंदीं गुन्यांवां विशीं, हाचे सयत वेग-वेगळया केशींनी पुलिसाचे अधिकार, न्यायालयाचे विवेकाधिकार आनी कर्तव्यां हाचे बाबतींत, उपेगी आनी म्हत्वाचीं मार्गदर्शक तत्वां आसात. *अर्नेश कुमार (सुप्रा)* हातूंत अशें थारायलां:

"9. *वयर दिल्ले तरतुदीचें सादारण वाचन केल्यार हें स्पश्ट जाता की, दंडा सयत वा दंड नासतना सात वर्सां परस उणी वा सात वर्सां मेरेनची बंदखणीची ख्यास्त आशिल्ल्या गुन्यांवाचो आरोप आशिल्ले व्यक्तीक, पुलीस अधिकाऱ्यान, फकत वयर दिल्ल्या प्रमाणें दंडनीय गुन्यांव केला म्हणपाच्या आदाराचेर अटक करूंक जायना. अटक करचे पयलीं पुलीस अधिकाऱ्याची, अश्या केशींनी अशे व्यक्तीन फुडलो गुन्यांव करचो न्हय म्हणून अशी अटक गरजेची आसा, हाची खात्री जावंक जाय; वा केशीची योग्य तपासणी करपा खातीर; वा आरोपीक गुन्यांवाचो पुरावो ना करपा सावन आडावपा खातीर; वा खंयचेय पद्दतीन अशा पुराव्यां कडेन छेडछाड करप; वा अशे व्यक्तीक खंयच्याय साक्षिदाराक कसलेंय प्रलोभन, धमकी वा वचन दिवन ताका न्यायालयांत वा पुलीस अधिकाऱ्या कडेन अश्यो वस्तुस्थिती उगड करपा पसून आडावप; वा जो मेरेन अशा आरोपीक अटक जायना, तो मेरेन, गरज पडल्यार न्यायालयांत ताची उपस्थिती निश्चीत करूंक मेळना. वस्तुस्थितींच्या आदारान एकाद्रो ह्या निश्कर्शां मेरेन पावपाक शकता. अशी अटक करतना, पुलीस अधिकाऱ्याक वस्तुस्थिती सांगपाची आनी जांकां लागून तो अशी अटक करपाच्या वयर दिल्ले खंयचेय तरतुदींत आशिल्ल्या निश्कर्शा मेरेन येवपाक पावलो, हाचीं कारणां लेखी स्वरुपांत नोंद करपाची सक्ती कायद्यांत आसा. तशेंच, अटक करूंक नाशिल्ल्याचीं लेखी कारणांय दिवप पुलीस अधिकाऱ्याक कायद्यान बंधनकारक आसा. सगळयांत म्हत्वाचो भाग म्हणल्यार, अटक करचे पयलीं, पुलिसान स्वताक प्रस्न करूंक जाय, अटक कित्याक? खरेंच ताची गरज आसा काय? ताका लागून खंयचो हेतू पुराय जातलो? ताका लागून खंयची वस्तू मेळटली? ह्या प्रस्नांचेर लक्ष दिल्या उपरांत आनी वयर दिल्ल्या एक वा हेर अटींची पुर्तता केल्या उपरांतच अटकेची कारवाय करपाची गरज आसा. थोडक्यांत, अटक करचे पयलीं, माहिती आनी पुराव्यांच्या आदाराचेर पुलीस अधिकाऱ्याक आरोपीन गुन्यांव केला हाचेर विस्वास दवरपाचें कारण आसूंक जाय. ते भायर, सीआर.पी.सी. कलम 41 च्या पोटकलम (1) च्या (ए) ते (ई) ह्या उप-पोटकलमांनी परिकल्पना केल्ल्या एक वा चड उद्देशां खातीर अटक गरजेची आसा अशें पुलीस अधिकाऱ्याक दिसूंक जाय.*

जामीन दिवपाचो प्रस्न उप्रासता त्या सगळया केशींनी, पुलीस अधिकारी आनी न्यायालयांनी पाळो दिवपाचे म्हत्वाचे निर्देश न्यायालयान दिल्ले. तशेंच, न्यायालयान *सिद्धार्थ* (सुप्रा) ह्या केशींतल्या आपल्या निर्णयांत वैयक्तीक स्वातंत्र्याचें केंद्रस्थान अधोरेखीत केल्लें :

*"10. वैयक्तीक स्वातंत्र्य हो आमच्या घटनात्मक आदेशाचो म्हत्वाचो पैलू आसा, हें आमी लक्षांत घेवंक जाय. जेन्ना बंदखणींतलो तपास गरजेचो जाता वा तो मारेकार गुन्यांव आसता वा जंय साक्षिदारांक प्रभावीत करपाची वा आरोपी फरार जावपाची शक्यताय आसता तेन्नाच तपासा वेळार आरोपीक अटक करपाचो प्रसंग येता. फकत कायदेशीर आशिल्ल्यान अटक करपाक मेळटा म्हूण अटक करपाक जाय अशें न्हय. अटक करपाच्या अधिकाराचें अस्तित्व आनी ताचो*

*वापर करपाचें औचित्य हातूंत फरक करपाक जाय. अटक नित्याची जाल्यार, तिका लागून मनशाचे प्रतिश्ठेक आनी स्वाभिमानाक अगणीत हानी करूंक शकता. आरोपी फरार जातलो वा समन्साक पाळो दिवचो ना अशें मानपाचें तपास अधिकाऱ्याक कारण ना जाल्यार, आनी खरें म्हणल्यार, ताणें पुराय वेळ तपासाक सहकार्य केल्लें आसत, जाल्यार आरोपीक अटक करपाची अधिकाऱ्याचेर सक्ती कित्याक आसूंक जाय, हें आमकां समजना."*

12. सद्याच्या प्रकरणांत, न्यायालयाचें अशें मत आसा की, अपीलकर्त्याक अटकपूर्व जामीन दिवपाच्या अधिकारा पसून पयस दवरपा सारकीं खंयचींच विशेश अशीं वैशिश्ट्यां वा घटक फुडें येवंक नात वा खंयचीच अपवादात्मक वस्तुस्थिती उप्रासूंक ना. ह्या जोडप्याचें लग्नाचें नातें बस्तान बसचे पयलींच इबाडलें ही गजाल म्हत्वाची न्हय, जाल्यार अपीलकर्त्या आड केल्ले आरोप ह्या पांवड्यार खरे वा अंशता खरे आसात, ज्यो निदान ह्या न्यायालया खातीर तरी, चडश्यो अनुमानाच्यो गजाली आसतल्यो हें म्हत्वाचें. पूण, नोंद करपा सारकी गजाल म्हणल्यार, अटकपूर्व जामीन प्रलंबीत आशिल्ल्या काळाचे दोन वांटे करूं येतात - पयलो, खंयच्याच अंतरीम आदेशा वरवीं (एप्रील 2022 ते 08.08.2022 मजगतीं) ताका संरक्षण मेळ्ळें ना. दुसरें, 08.08.2022 दिसा उच्च न्यायालयान सीआर.पी.सी.च्या कलम 438 खाला ताचो अर्ज प्रलंबीत आसतना ताका अटक करची न्हय, असो आदेश पुलिसांक परिणामकारक रितीन दिलो. म्हत्वाचें म्हणल्यार, तपास पुराय जालो आनी 08.08.2022 उपरांत आरोपपत्र दाखल जालें आनी सत्र न्यायाधिशान खरी दखल 01.10.2022 दिसा घेतली. ह्या घटकांक म्हत्व आशिल्लें आनी जरी उच्च न्यायालयान ह्या घटकांची दखल घेतली, तरी तांचो अर्थ पुराय वेगळे तरेन लायलो. नोंदींतल्यान अशें दिसता की अपीलकर्त्यान 08.08.2022 पयलीं, जेन्ना ताका कसलेंच संरक्षण मेळूंक नाशिल्लें तेन्ना आनी 08.08.2022 उपरांत आरोपपत्र दाखल जायत मेरेन आनी उपरांत 01.10.2022 दिसा ताची दखल घेय मेरेन ताका संरक्षण मेळ्ळें, तेन्ना ताणें तपासाक सहकार्य केल्लें. ताका लागून, एकदां आरोपपत्र दाखल जालें आनी तातूंत कसलीच आडखळ नाशिल्ल्यान, कमीत कमी आरोपीचे वतीन गुन्यांवांचें स्वरूप, आरोप आनी गुन्यांवां खातीर तांकां मेळपाची शक्यताय आशिल्ल्या चडांत चड ख्यास्तीची दखल घेवन न्यायालयान अर्थातच जामीन दिवपाक जाय आशिल्लो. पूण न्यायालयान तशें केलें ना, बुद्दविरयत अर्ज भायर मारलो आनी, अक्षरशा, परिस्थिती आनीक कठीण करपा खातीर अपीलकर्त्याक आत्मसमर्पण करपाचो आनी न्याय चवकशी (ट्रायल) न्यायालया मुखार नियमीत जामीन मागपाचो आदेश दिलो. ते खातीर, उच्च न्यायालयान अशी वयलेचाराची पद्दत

आपणायल्ल्यान त्रुटी घडल्या अशें मत ह्या न्यायालयाचें आसा. ताका लागून, जामीन न्हयकारपाचो आनी अपीलकर्त्याक आत्मसमर्पण करपाचो आनी उपरांत जामीन मागपाक सांगपाचो आक्षेपीत आदेश, आधारहीन आसा, आनी तो हांगा रद्द करता. सोंपोवचे पयलीं, अशी न्याय प्रक्रिया चलपी सगळ्या न्यायालयांनी *अर्नेश कुमार (सुप्रा)* हातूंत थारायल्ल्या कायद्याचें सक्तीन पालन करपाचो आनी ताचे खाला आशिल्ल्या निर्देशांचो तेच भशेन हेर निर्देशांचो पुनरुच्चार करपाचो निर्देश न्यायालय दिता:

"I. 11. पुलीस अधिकारी गरज नासतना आरोपीक अटक करिना आनी न्यायदंडाधिकारी अशे स्थानबद्दतेक सहजपणान आनी बुद्दी विरयत अधिकृत करिना हाची खात्री जावची, हो ह्या न्यायनिवाड्यांत आमचो यत्न आसा. वयर आमी निरिक्षण केलां ताची खात्री करूंक, आमी सकयल दिल्ले निर्देश दितात:

11.1. भारतीय दंड संहितेच्या 498-ए कलमा खाला केस नोंद जातकच, आरोपीक रोखडीच अटक करची न्हय, आनी सीआर.पी.सी. च्या 41 कलमांत दिल्ले परिमितींत अटक करपाचे आवश्यकताये विशीं स्वताक समाधानी करचें अशी सुचोवणी सगळ्या राज्य सरकारांनी आप-आपल्या पुलीस अधिकाऱ्यांक करची;

11.2. सगळ्या पुलीस अधिकाऱ्यांक कलम 41(1)(बी)(ii) खाला निर्दिश्टीत उपकलमांनी आशिल्ली तपास-वळेरी दिवची;

11.3. आरोपीक आनीक स्थानबद्द दवरूंक न्यायदंडाधिकाऱ्या मुखार व्हरतना/हाडटना, पुलीस अधिकारी- योग्य रितीन भरिल्ली तपास-वळेरी मुखार धाडटले आनी अटक करपाचे आवश्यतायेचीं कारणां आनी मुद्दे दितले;

11.4. आरोपीक स्थानबद्द दवरूंक अधिकृत करतना न्यायदंडाधिकारी वयर केल्ल्या शर्ती प्रमाणें पुलीस अधिकाऱ्यान दिल्लो अहवाल सारके नियाळटले आनी आपलें समाधान नोंदयल्या उपरांत, न्यायदंडाधिकारी स्थानबद्दतेक अधिकृत करतले;

11.5. आरोपीक अटक करिना हो निर्णय, केस स्थापीत जावपाचे तारखे सावन दोन सप्तकां भितर निर्णयाचे प्रती सयत दंडाधिकाऱ्याक धाडचो, आनी कारणां लिखीत स्वरुपांत नोंद करून जिल्ल्याचो पुलीस अधिक्षक हो निर्णय अदीक काळा खातीर वाडोवंक शकता;

11.6. केस स्थापीत जावपाचे तारखे सावन दोन सप्तकां भितर आरोपीक सीआर.पी.सी. च्या 41-ए कलमाक धरून हाजीर रावपाची

कळोवणी पावोवची, आनी कारणां लिखीत स्वरुपांत नोंद करून जिल्ल्याचो पुलीस अधिक्षक हो निर्णय अदीक काळा खातीर वाडोवंक शकता;

11.7. वयर दिल्ल्या निर्देशांचें पालन करूंक अपेस आयल्यार, संबंदीत पुलीस अधिकाऱ्या आड खात्यांतर्गत कारवाय जातली, तशेंच न्यायालयाच्या अवमाना खातीर त्या अधिकारक्षेत्रांत येवपी उच्च न्यायालयांत केस स्थापीत जावन दंडाक पात्र थारतले.

11.8. संबंदीत न्यायदंडाधिकाऱ्यान वयर दिल्ल्या प्रमाणें कारणां नोंद करिनासतना स्थानबद्दतेक अधिकृत केल्यार, योग्य उच्च न्यायालय खात्यांर्तगत कारवाय करूंक पात्र थारतले.

12. वयर दिल्ले निर्देश, हाताळटा ते केशीक धरून, फकत भारतीय दंड संहितेच्या कलम 498-ए वा हुंडो प्रतिबंधात्मक अधिनेमाच्या कलम 4 खालच्या केशींक लागू जावचे ना तर, सात वर्सां सकयली बंदखण वा सात वर्सां मेरेनची बंदखण, दंड आसूं वा नासूं, जावंक शकपी गुन्यांवांच्या केशींक लागू जातली."

II. सत्र न्यायालयां आनी विंगड विंगड गुन्यांव हाताळपी हेर सगल्या आनी फौजदारी न्यायालयांनी पाळो दिवंक जाय म्हणून अधिसुचोवणी आनी मार्गदर्शक तत्वांच्या रुपान उच्च न्यायालयान वयल्या निर्देशांची बांदावळ करची.

III. तशेंच, वयल्या निर्देशां संदर्भांत कडक सुचोवण्यो जारी केल्यात हाची खात्री सगळया राज्यांतले पुलीस म्हासंचालक करतले. आयज सावन आठ सप्तकां भितर दरेका राज्यांतल्या कनिश्ठ न्यायालयांक आनी पुलीस अधिकारिणींक मार्गदर्शन दिवंक अशीं मार्गदर्शक तत्वां आनी निर्देश/खात्याचीं परिपत्रकां जारी केल्यांत हाची खात्री उच्च न्यायालयां आनी सगळया राज्यांचे डी.जी.पी. करतले.

IV. सगळीं राज्यां आनी उच्च न्यायालयां आपल्या निबंधका वरवीं ह्या न्यायालयाक अनुपालन प्रतिज्ञापत्र दाखल करतलीं.

13. वयर उल्लेखीत शर्तींक धरून अपिलाक मान्यताय दितात. न्याय-चवकशी न्यायालय (ट्रायल कोर्ट) घालता ते नेम आनी अटींचे अधीन अपीलकर्त्याक जामिनाचेर सोडपाचो निर्देश दिता. सगळया राज्यांतल्या उच्च न्यायालयांनी आनी पुलीस अधिकारिणींनी, वयल्या परिच्छेदांत सांगिल्ले पद्दतीन, वयल्या निर्देशांचें पालन उल्लेख केल्ले वेळ मर्यादी भितर करूंक जाय.

.......................................... न्या.

[एस. रवींद्र भट]

..........................................न्या.

[अरविंद कुमार]

नवी दिल्ली;

31 जुलय 2023

*अस्विकरण*

*ह्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी भाशेंतल्या ह्या अणकाराचो वापर हो पक्षकाराक ताचे/तिचे मायभाशेंत ताचो अर्थ समजून घेवपा पुरतोच मर्यादीत आसतलो आनी ताचो हेर खंयच्याच कारणा खातीर वापर करूंक येवचो ना, तशेंच इंग्लीश भाशेंतलो न्यायनिर्णय होच सगळया वेव्हारीक आनी कार्यालयीन वापरा खातीर विश्वासनीय आसतलो आनी तोच तातूंतल्या आदेशाच्या कार्यान्वियन आनी अंमलबजावणे खातीर वैध मानतले.*

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**